# <u>रस्तो सुरक्षा सप्तकाचो समारोप</u>

ता .२३ सप्टेंबर २०१९

०१ अश्विन १९४१

१७ सप्टेंबर २०१९ दिसा सूरू जाल्ल्या ९ व्या राज्य रस्तो सुरक्षा सप्तकाचो आयज समारोप जालो. सांखळीच्या रविंद्र भवनात जाल्ल्या समारोप सुवाळ्याक येरादारीमंत्री श्री मॉविन गुदिन्हो, येरादारी संचालक श्री. राजन सातार्डेकर, साई नर्सिंग इन्स्टिट्यूटच्यो अध्यक्ष श्रीमती सुलक्षणा सावंत, रविंद्र भवनचे अध्यक्ष श्री विठोबा घाडी, गोवा कॅनचे निमंत्रक श्री रोलांड मार्टिन आनी हरवळे ग्राम पंचायतीचे सरपंच श्री गुरूप्रसाद नाईक हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना श्री गुदिन्हो हांणी लोकांनी रस्त्यार वाहन चलयतना शिस्त बाळगूपाची आनी येरादारीचे नेम पाळपाची गरज उकतायली. लोकांनी सकारात्मक दृश्टीकोन बाळगून नेम पाळपाची गरज आसा. हे नेम आमच्या बऱ्याखातीर आसात. रस्त्याचेर जावपी अपघात टाळपा खातीर आमी रस्त्याचेर शिस्त बाळगूपाक जाय आनी नेम पाळपाक जाय, अशें तांणी सांगले.

श्रामती सावंत हांणी आपल्या उलोवपात रस्त्यावयले अपघात टाळपा खातीर समाजामदी रस्त्यांचेर पाळपाच्या नेमांविशीं जागृताय करपाची गरज उकतायली.

सुरवेक पालवी येरादारी संचालक श्री. मिनेश तार हांणी रस्तो सुरक्षा नेम आनी येरादारी खुणांची म्हायती दिली.

संचालक श्री. सातार्डेकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. दिवचल्या शांतादूर्गा हायस्कूलच्या विध्यार्थ्यांनी पथनाट्य सादर केले.

येरादारी खात्यान सप्तकानिमतान आयोजित केल्ल्या विंगड विंगड सर्तीच्या जैतवंताक मानेस्तांच्या हस्तूकीं इनामां भटयली.

श्री. प्रभू आनी श्री. जेफ्री सिक्वेरा हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. जाल्यार श्री. संदीप देसाय हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ प्रधु/ २०१९/६१२

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA